डीबीटी चो पर्याय वेंचूनाशिल्ल्या गिरायकांखातर, आधार / ई-केवायसी वापरून खातें उगडपाखातर अर्ज

प्रति
शाखा वेवस्थापक, ___________ शाखा.
एचडीएफसी बँक लिमिटेड ("बँक" ज्या संज्ञेत तिचे वारस आनी नियुक्त व्यक्तींचो आसपाव आसतलो)

विशय: आधार - जाणविकायपूर्ण संमती

1. हांव आपखोशयेन आधार ओव्हीडी केवायसी वा ई-केवायसी वा ऑफलायन सत्यापनाचो पर्याय वेंचता आनी बँकेक म्हजो आधार क्रमांक, आभासी वळख, ई-आधारल, एक्सएमएल, लिपयिल्लो आधार, आधार तपशील, गिरायक तपशील, वळखीविशीं माहिती, आधार नोंदणीकृत भ्रमणध्वनी क्रमांक, चेरो प्रमाणन तपशील आनी/वा जीवमिती माहिती (एकत्रीतपणान, **"माहिती"**)

2. म्हाका बँकेन सुचीत केलां की:

   (i) आधार सादरीकरण हें अनिवार्य ना, आनी केवायसी आनी वळख स्थापित करपाखातर आधार सोडून हेर पर्यायी विकल्प आसात, ज्यांतूं अधिकृतपणान वैध दस्तावेजांसयत भौतीक केवायसीचो आसपाव आसा.

   (ii) ई-केवायसी/ प्रमाणन/ ऑफलायन सत्यापनाखातर, बँक आधार क्रमांक आनी/वा जीवमिती सीआयडीआर/ यूआयडीएआय वांगडा वांटून घेतली आनी सीआयडीआर/ यूआयडीएआय बँकेवांगडा प्रमाणन आधारसामुग्री, आधारपत्रिकेची आधारसामुग्री, गिरायक तपशील, नोंदणीकृत भ्रमणध्वनी क्रमांक, वळखीची माहिती हें वांटून घेतले, जे सकयल 3 हांगा उल्लेख केल्ल्या जाणविकायपूर्ण हेतांखातर वापरतले.

3. हांव फुडल्या जाणविकायपूर्ण हेतांखातर बँकेक (आनी तिच्या सेवा पुरवणकर्त्यांक) अधिकृत करता आनी म्हजी संमती दिता:

   (i) बँकेची / बँकेवरवींची अस्तित्वांतली आनी फुडाराची सगलीं खातीं, सुविधायो, सेवा आनी नातेसंबंद हांचेखातर, पीएमएल कायदो, 2002 आनी ताचे अंतर्गतचे नेम आनी आरबीआय मार्गदशक हांचेप्रमाण, केवायसी आनी नेमान केल्ली केवायसी प्रक्रिया वा म्हजी वळख स्थापित करप, म्हजी वळख पटोवप, ऑफलायन सत्यापन वा

ई-केवायसी वा हय/ना प्रमाणन, गिरायक तपशील वा हेर प्रमाणन/ सत्यापन/ अभिज्ञान जशें करपाक लागू कायद्याप्रमाण परवानगी आसा.

(ii) माहिती एकठांय करप, वांटून घेवप, संग्रहीत करून दवंरप, संरक्षीत करून दवंरप, नोंदी राखप आनी माहिती आनी प्रमाणन/ सत्यापन/ अभिज्ञान नोंदी वापरप : (अ) उपरोल्लेखित जाणविकायपूर्ण हेतांखातर, (ब) तशेंच नियामक आनी कायदेशीर अहवालांखातर आनी नोंदींखातर आनी/वा (क) लागू कायद्या अंतर्गत जंय आवश्यक आसा थंय;

(iii) म्हजें खातें आधार सक्षमीकृत फारीक सेवां (एईपीएस) खातर कार्यक्षम करपाखातर;

(iv) संमती, माहिती वा प्रमाणन, अभिज्ञान, सत्यापन आदींच्यो नोंदी आनी नोंदपुस्तकां , न्यायालय वा खंयचेय प्राधिकारी हांचेमुखार वा लवाद कार्यवाहींत हांचेसयत, पुराव्याच्या हेतांखातर सादर करप.

4. हांव समजतां की आधार क्रमांक आनी म्हत्त्वाचे जीवमिती, कायद्याप्रमाण आनी सीआयडीआर सादरीकरणाखातर सोडून, संग्रहीत करून/ वांटून घेवंचे ना. म्हज्या आधार नोंदणीकृत भ्रमणध्वनी क्रमांकाचेर प्राप्त जाल्लो एकवेळ परवलीचो शब्द (ओटीपी) वापरून हांवें ई-आधार स्वताच डावनलोड केल्लें आसा. हे दस्तावेज जर नेमाप्रमाण नाशिल्ल्याचे कळ्ळें वा हांवें खंयचीय चुकीची माहिती पुरवण केली, जाल्यार हांव बँकेक वा तिच्या अधिकाऱ्यांक जापसालदार थारावचे(चो) ना.

5. उपरोल्लेखित संमती हांवें आपखोशयेन दिल्या आनी माहिती घेवपाचो हेतू म्हाका म्हज्या थळाव्या भाशेंत समजावन सांगिल्लो आसा.

गिरायकाचें नांव: हस्ताक्षर:

तारीख: